## जॉन आगियार हांका राष्ट्रपती विशेश सेवा पदक

ता. 25 जानेवारी 2020

गृहरक्षक पणजी विभागाचे कंपनी कमांडर श्री. जॉन आगियार हांका विशेश सेवेखातीर राष्ट्रपती गृहरक्षक आनी नागरी सुरक्षा सेवा पदक जाहिर जाला. प्रजासत्ताक दिसाच्या पुर्वसंध्येक भारत सरकाराच्या गृह वेव्हार मंत्रालयान नवी दिल्लीच्यान राष्ट्रपती पदक विजेत्यांची घोशणा केली.

म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्याचे म्हायती अधिकारी श्री. आगियार हांका 2012 वर्सा उत्कृश्ट गृहरक्षक आनी नागरी सुरक्षा सेवा राष्ट्रपती पदक फावो जाल्ले. तांका उत्कृश्ट गृहरक्षक सेवेखातीर मुख्यमंत्री पदकय फावो जाल्ले आसा. तशेंच तांका 2013 वर्सा गृहवेव्हार मंत्रालयाचे प्रशस्तीपत्र फावो जाला. तशेंच तांका एनसीसी विभागाकडल्यानय पुरस्कार फावो जाल्यात.

श्री. आगियार हांणी गृहरक्षक विभागात काम करतना अनेक उपक्रम चालीक लायले. घुवळीं वखदांआडच्या अनेक जागृती मोहिम आनी कार्यक्रमांनी तांणी वाटो घेतला. तांणी अनेक वेळा एनसीसी शिबीरांनी विद्यार्थ्यांक मार्गदर्शन केला.

श्री. आगियार हांणी पुलीस महानिरिक्षक श्री. जसपाल सिंग तशेंच म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्याच्यो संचालक श्रीमती मेघना शेटगांवकर हांचे तांणी दिल्ले प्रोत्साहन आनी सहकार्याखातीर आभार मानल्यात.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ 2020/73

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA